गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

-

**<u>फोंडे म्हालातल्या हुंवार पिडेस्तांक मजत वितरीत</u>**

ता. २८ ऑगस्ट २०१९

०६ भाद्रपद १९४१

गोंयांतल्या सुमार ८०० हुंवार पिडेस्तांक मेळून सरकार १.५ कोटी रूपयां लुकसाण भरापाय वितरीत करतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज फोंडेच्या राजीव गांधी कला मंदिरात दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयान गोंय राज्य आपत्ती वेवस्थापन निधी येवजणेतल्यान लुकसाण भरापाय दिवपा खातीर आयोजित केल्ल्या कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

कमी प्रमाणांत लुकसाण जाल्ल्यांक कमीत कमी १० हजार जाल्यार घरांचे पूराय लुकसाण जाल्ल्यांक १.१० लाख रूपया आर्थिक मजत दितले, अशें सांगून मुख्यामंत्र्यान लोकांनी मुख्यमंत्री मजत निधी खातीर सदळ दातांनी मदत करपाचो उलो मारलो आनी मुख्यमंत्री मजत निधीक ५० हजार रूपयां दिल्ले खातीर सांताकृज रिक्षा संघटनेचे अभिनंदन केले.

पेडणे म्हालतल्या हुंवार पिडेस्तांक १५० धनादेश, बार्देस म्हालातल्या हुवार पिडेस्तांक २५० धनादेश, दिवचल म्हालातल्या हुंवार पिडेस्तांक १०५ धनादेश, तिसवाडी म्हालातल्या हुंवार पिडेस्तांक ७० धनादेश आनी फोंडे म्हालातल्या हुंवार पिडेस्तांक ११० धनादेश वितरीत केल्ल्याचे मुख्यमंत्र्यान सांगले.

हुंवार पिडेस्त शेतकरांक लुकसाण भरपाय दिवपा खातीर लुकसाणीचो अहवाल तयार करपाचे काम चालू आसून शेतकारांक रोखडीच आर्थिक मजत वितरीत करतले. तशेंच ज्या हुंवार पिडेस्तांनी लुकसाण भरपाये खातीर आजून अर्ज केल्ले ना तांणी ते संबंदीत अधिकाऱ्याकडेन सूपूर्द करचे, अशेंय मुख्यमंत्र्यांन सांगले.

मुख्यमंत्र्यान हुंवार पिडेस्तांक मदत करपा खातीर संबंदीत सरकारी यंत्रणां आनी लोकांनी केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केली.

कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी मनशाची जीण मोलादी आशिल्ल्याचे सांगून आपत्तीच्या प्रसंगार लोकांनी जागरूक रावपाची गरज उकतायली. हुंवार पिडेस्तांक कमी वेळाभितर लुकसाण भरपाय दिवपाचे काम मुख्यमंत्र्यान केल्ल्याचेय तांणी म्हणले.

आमदार श्री. रवी नाईक हांणी हुंवार पिडेस्तांक वेळार लुकसाण भरपाय दिवपाचे बरे काम मुख्यमंत्र्यान केल्ल्याचे सांगून हुंवाराच्या प्रसंगार जिल्होधिकारी, मामलेदार, उजो पालोवपी दळ आनी हेर यंत्रणांनी केल्ल्या मदत कार्याची तोखणाय केली.

ह्या वेळार आमदार श्री. रामकृष्ण ढवळीकर, श्री. सुभाष शिरोडकर, आदले खासदार श्री. नरेंद्र सावयकर, फोंडेचे उपनगराध्यक्ष श्री. विश्वनाथ दळवी, दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी श्री. अजीत रॉय, अतिरिक्त जिल्होधिकारी श्री. अरविंद खुटकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

मा/वाप/एमएस/जॉन/विगा/प्रधु/२०१९/५५०

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA